स्पन्दन

भास कोंकणी आवसु आमची। लिपि देवनागरी उडगासु दवराची।।

Date of Publication : 1 - 4- 2014

तुमका नववत्सर शुभाशंसा

केरळ कोंकणी अकादमी

कोच्ची

रुपया पाँच मात्र

Vanitha™
AYUR

Slim Tone
Shape Up Naturally

NO food control
exercise
side effects

- Eliminate bulk and unwanted obesity
- Reduce conversion of carbohydrates to fats
- Prevent oxidation of lipids by free-radicals
- Improve your functions
- Designed for long-term therapy

HERBAGRA
Herbal Energy Capsule

- Streamline premature ejaculations
- Rejuvenate the body by producing extra energy
- Corrects seminal debility and low sperm count
- Natural and effective formula
- Meant for long-term therapy

EXPORT ENQUIRES WELCOME

ALL NATURAL ACTIVE INGREDIENTS
ECO-FRIENDLY PROCESS ARE USED IN MANUFACTUARING

GMP Certified

ISO 9001 2008

100% pure & natural

Mfd by:
AYUR RESEARCH CENTRE
ISO & GMP Certified Company
Tripunithura - 682 306, Kerala, Ph: +91 484 3931281, 3931282, 2785023
Email: vanithaayurvedics@vsnl.net www.vanithaayurresearch.com

स्पन्दन

प्रकाशन : केरळ कोंकणी अकादमी, कोच्ची

SPANDAN

Published by :
KERALA KONKANI ACADEMY
8/28, 'Santhery', 1st Floor,
Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road,
Cochin - 682 002. Mobile : 94477 35849
Email : keralakonkaniacademy@gmail.com

खंड : 3 अंक : 4 1936 चैत्र

मुखेल संपादक
सुरेश ए. शेणै

उप संपादक
पी. मनोहर

कोशाधिकारि
आर. के. प्रकाश

वाँगडी
जी. मोहन राव

न्यायोपदेशक
अड.वी.एन. वसन्त कुमार

प्रचार-प्रसार
टी. आर. सदानन्द भट

Graphics by :
K. Santhosh
Mob : 9895212521

मुखचित्र : (१)गोवा कोंकणी अकादमी तरपेन अस्सिले 'कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार २०१३' गीता धर्मराजन हांगेलगी थकून स्वीकार करतात केरळ कोंकणी अकादमीचे पी. मनोहर अनीक जी. मोहन राव। (२) गोवा कोंकणी अकादमी २०१३ पुरस्कार स्वीकार केल्लेल्यांचे चित्र।

लेखनान्तुली मतां त्या त्या बरोवप्याचीं

प्रति - ₹ 5/-
वार्षीक - ₹ 60/-

संपादकीय

केरळ कोंकणी अकादमीचे स्थापना 1980 वर्सा जाली। केरळचे बरोवप्यांक उत्तेजन दींव्का आनी तांगेले रचना उजवाडांवका म्हळेले आसीले प्रथम उद्देश। आज थांय 30 पुस्तकां अकादमीन उजवाडाक हाळ्या। 1986 वर्सा थाकून अकादमी कोंकणी गद्या खातीर "पंडरिनाथ भुवनेन्द्र पुरस्कार" दीवनु एत्ताय अनी ह्या पुरस्काराक आताँ व्होड प्रतिष्ठा लाबल्या। 2010 वर्सा थाकून अकादमीन 'स्पन्दन' नांवाचे एक म्हैनाळे प्रारंभु केला। 'स्पन्दन' केरळान्तले एक मात्र कोंकणी नेमाळे आसा।

जाल्यारि ह्यें पूरा आपण्याले अल्प मात्र आर्थिक बलाचेर, चमकून आयल्या। आजि थांय सरकाराचे कसलेय आर्थिक सहाय मेळने। आजी प्रथम जावनु गोवा कोंकणी अकादमी तरपेन 'कोंकणी सेवा संस्था पुरस्कार २०१३' रूपान एक अंगीकारु अकादमीक फाव जाला म्हळेले अभिमानाचो विषयु। मुकारचे प्रवर्तनाक ह्यें अकादमीक उत्तेजन मेळतलें। गोवेतर संस्थेक आनी साहित्यकारांक अंगीकार दिल्लेले गोवा कोंकणी अकादमी लागी आमी आभारी आसाय।

कोच्ची,
01-04-2014

सुरेश ए. शेणै,
मुखेल संपादक.

ആശംസകളോടെ.....

മാർജിൻ ഫ്രീ മാർക്കറ്റ് (രജി.)

(Controlled by Consumer Protection & Guidance Society, Regn. No. T.477/93)
1/1670 A,B,C. അമരാവതി, കൊച്ചി - 682 001
Phone : 2216112, 96050 90909, 99954 05866
ESTD 1994
HOME DELIVERY
ALL MAJOR CREDIT & DEBIT CARDS ACCEPTED

2013 वर्साचे साहित्य/भाशा सेवा पुरस्कार

गोवा कोंकणी अकादमीचो "कोंकणी सेवा संश्था पुरस्कार - 2013" केरळ कोंकणी अकादमीक फाव जाला म्हळेलें अभिमान पूर्वक जाणेयताय। ₹ 25,000/- मानचिह्न, सन्मान पत्र, साल ह्या स्वरूपान्त अस्सिले त पुरस्कार।

21 मार्च 2014 तारिकेक कला अकादमी गोवा काम्पसान्त चमकीले सुवाळ्यान्तु दोवोर्नु पुरस्कार वितरण जालें।

बेळगांव - 28-3-2014 तारिकेक अ. भा. कोंकणी परिशदेच्या 29 व्या अधिवेशन कर्नाटकाचे पर्यटन मंत्री आर. व्ही. देशपाण्डेन दिवली लावनु उद्‌घाटन केल्लें। शंकर रामाणी नगरान्तुले (बेळगांवान्तु लिंगराज काळेजाक लगून अस्सिले महात्मा गान्धीजी भवन) भद्रगिरी अच्युतदास मांचयेर चमकीले ह्ये कार्यक्रमान्तु अवदूत तिंबलो, अरविंद भाटीकार, सुनीता काणेकर, बी.एन. कुतिन्हो, गोकुलदास प्रभु अनि हेर मानेस्त उपस्थित अस्सिले। ह्ये वेदीर पुंडलीक नायक, तुकाराम रामा शेट, वॅन्डेल रोड्रिगस अनि माया खरांगटे हांचो भोवमान जल्लो। सुधा खरांगटेची बाल साहित्यांची पुस्तकां 'सदाफुली' अनि 'चिंगम', एडविन डिसौज़ा हांचे 'पयण अनि हेर कथा', आर.एस. भास्कर हांचे 'युगपरिवर्तनाचो यात्री', रेखा रामनाथ नायक हांचे 'कामाक्षीची पुण्याय' संगीत नाटक अनि गौरीश वेर्णेकार हांचे 'अभंग भावगीतां' ह्या पुस्तकांचे विमोचनय जल्ले।

2014 फेब्रुवरि 28 - मार्च 1 - 2 दिस्साचे कार्यक्रमान्तु केरळान्तुले सुमार 50-60 जनानि भागु घेतलो। परिसंवाद, कवि सम्मेळन अनि सांस्कृतीक कार्यावळीन्तु सग केरळचे प्रतिनिधि अस्सिले। परिशदेच्या अमृत महोत्सव (75 वर्ष) वर्सांतु ह्यें 29 वें रंगारंगी अधिवेशन जाल्या।

With best compliments from :

KARTHIKA TIMBER TRADERS

Timber Merchants & Commision Agents

9/1006 (9/1004 B-New) Anakettu Parambu, Pandikudy Road, Cochin - 682 002
Ernakulam (Dist.), Kerala. E-mail : karthika_2008@vsnl.net

R. Venkateswara Pai
Mob : 9847200121
9656210695
Ph : 0484 2210695

Suppliers & Manufacturers of Rubber Wood Packing Cases and Materials

सुशीला टी. भट्ट हांगेलो प्रथम कोंकणी पुस्तक 'अज्जेलीं वोक्कदां' छापून प्रकाशन जाल्या। हन्तु स्पन्दन अभिमान पंवताय। 1976 थकून कोंकणी प्रर्वतन रंगारि काणि, कवन, लेखन, प्रबन्ध, नाटक अवतरण, बाल साहित्य, लोकगीत, पाचक, हरिकथा इत्यादी अनेक शाखेंचेर सक्रिय अस्सिली जल्यारीय सत्तेरा वर्षा लगि परिवारिक प्रतिकूल साहचर्यान कर्तना मगलान गेल्लेले हांका वापस प्रवर्तन रंगान्तु हाडूक जल्ले स्पन्दनाक 'अज्जेलीं वोक्कदां' म्हळेले पंक्ति वट्टेन। अतँ कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर म्हळेले संस्थेन मुक्कारि सोर्नु ह्यें एक पुस्तक रुपारि प्रसिद्धीकरण कोर्नु शिवरात्रि दीसा (27-02-2014) गोश्रीपुरेशाले चरणकमलाचेंर अर्पण कोर्नु उजवाडायला। स्पन्दनाचे एक दौत्य अनि उद्यम सफल जल्लें अस्सि अम्मि लेकताति।

कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर हाजे मुखेल कार्यदर्शी एम. लक्ष्मण किळिकार पुस्तकाचो दुसरो प्रति प्रसाद सेय्त लेखिकाक दित्ता। लगी के.श्रीनिवास पै हान्नि।

साहित्य अकादमी अनी कोंकणी साहित्य अकादमी, केरळ मेळनु केरळान्तले कोंकणी नाटक ह्या विषयान्त एक परिसंवाद चमकीलो। 23 मार्च 2014 तारिकेक एरणाकुळम स्वर्णभवनान्तु चमकीले कार्यक्रमान्तु विविध परिचर्चा आसीलि।

10-03-2014 -(केन्द्र) साहित्य अकादमी - भाषान्तर सम्मान 2013 - कोंकणीन्तु हेमा नायक (गोवा) हांका फाव जल्या। अलका सरावगीले "कलिकथा-वया (via) बाईपास" म्हळेले हिन्दी कादम्बरीचे कोंकणी भाषान्तराक तँ सम्मान।

बेळगांव चमकिल्या अ. भा. कोंकणी परिशदेच्या 29 व्या अधिवेशन हांगा कोंकणी केन्द्र-गोश्रीपुर अनि स्पन्दनाचे संयुक्त आभिमुख्यारि घल्लेले केरळ कोंकणी पुस्तक प्रदर्शिनि।

21-3-14 : गोवा कोंकणी अकादमीन, 'गोयां भयल्या लेखकां खातीर' ह्या विभागांतु अंदु वर्षा केरळचि **डॉ. एल. सुनीता बाई** हांच्या 'शंखनाद' ह्या कविता पुस्तकाक पुरस्कार दिल्लो। 15,000/- रु. शाल, नार्लु, मानचिह्न अनि सन्मान पत्र ह्या स्वरूपान्त तं पुरस्कार अस्सिलो।

With best compliments from :

G. VASANTHKUMAR PAI
Phone : 0481-2421449 (R) 2422376

Sri. Padmavathi Trading Company

INDIAN DRUGS & BAKERY GOODS MERCHANTS

Srinivas Building, Market Road, Changanacherry.

With best compliments from :

RAMCO
FAMILY CIRCLE

D. P. RAMESH

THE RAMCO CEMENTS LIMITED
RAMCO

M/s. MEMANA AGENCIES

Beena Shopping Complex
Nadakkavu Road, Cherthala,
Alleppey District - 688 524

Phone : Off : 0478 - 281 4079
Res : 0478 - 281 6179
Cell : 98474 44079

मनाचें पाळ-7

कृष्ण नारायण नायक, कोच्ची

"प्रभाकरा तेज प्रभावु"

पूर्वा सन्ध्या प्रवर्तते - दौत्य विजयाक वेल्लेले रविकुलतिलकांक विश्वामित्र महर्षीलिं जागवप। फल्ले फल्यारि सुप्रभातु मनान पाठु कर्तलो लोकु आजीय मस्त आस। आदित्य देवाक आराध्यमूर्तीक शुभवन्दन आदरार्पण। ब्रह्ममुहूर्तारि उठावनु नित्यानुष्ठानानन्तर दिव्य मन्त्रानि सूर्यदेवाक जलार्घ्य दिवचें प्राचीन भारत संस्कारु। जपतपार्जित तांगेले शक्ति प्राविण्यान सर्वमण्डलान्तु आमगेलें देश जगाक आकर्षण केन्द्र जालें। आजीयि आश्रम आराधनालयं आत्मोद्धार केन्द्र नन्तना जीवित मूल्य महत्व समझिले साधु सन्यासि सन्त ब्रह्मचारि गृहस्थ वानप्रस्थी त्या मार्गान्तु बद्ध श्रद्ध आसाय। यश श्रेया मूलाधारु - भास्करु। परम तेज महामूर्ति दिनकरालि-दिवाकरालि कृपा विना एक कस्पट ह्या भौम जीवनान्तु असाध्य। सृष्टि वंश संचालनान्तु श्री सूर्य नारायणा सानिध्य अनुनिमिष सुप्रधान। चराचर स्थिति गति मुक्ति, स्थल तल स्थायित्व ऋतुकाल परिवर्तन वायु प्रसारु जलोत्पत्ति प्रकाश विन्यास प्रकृतिरक्षा... सगटाचें स्थूल सूक्ष्म सुकान केन्द्र सप्ताश्वरथ आरूढ तेजभण्डार सूर्य परमात्म-हाहा प्रभाकरा तेज प्रभावु अखण्ड अपार अतुल्य अवर्ण्य अमूल्य अनन्त अमोघ अमर अनश्वर....

सूर्य नमस्कार आरोग्याक अछड, देहरक्षेक, एकावन। मनो विकासाक आत्मोन्नतीक सूर्योपासना अगत्य अनिवार्य। कोनार्क सूर्य क्षेत्र विश्व विख्यात। संक्रमणाक साजून नामकरण, सिवाय दक्षिणायण उत्तरायण पाप-पुण्यकाल ना। अपर्व पर्वकाल ये संकल्प अवास्तव म्हुण निरीक्षण व्यक्त करता। अर्क कटाक्षवृष्टि निष्पक्ष निरन्तर अनस्यूत आनि अनवरत। सदा तशी षोडश संस्कारान्तूय सूर्य सम्बन्धु सुदृढ। दिनेशदेवाले उदय समय भग्वगोळाकारान्तु मुग्ध जावनत्तिलो कोण? हर्ष चकित पशु पक्षि प्राणि वर्गालो स्तुति पाठा वेळु। सस्यसमूहालो पुष्प फल समर्पण सन्दर्भु ! भूपालादि उदयरागाचिं भिन्न भासे कीर्तनं निर्गळेवंचे निमिष ! पश्चिम क्षितिजान्तु अस्तमयकालु गोदूळि सन्ध्या सूचना। दिनान्त विश्राम संकेत। कसले तें सविशेष अपूर्वफल-ताणूक गंभीर साहसान सूर्या दिशीं कुद्दलो हनुमन्तु वरप्राप्तीक प्राप्त जालो - वज्रदेहि चिरन्जीवि। अरुण भास्कर वरुण मण्डल मद्यवर्ति सूर्य प्रणाम सन्धेन्तु जत्ता। धर्मबोध जागरणाचि एकि उपाधि। गणित प्रतिभासान मोडा प्रवाहमध्ये प्रकट जत्ता इन्द्र धनुष। सप्तवर्ण विस्मयान्तु मोरोलें हर्ष नृत्य दर्शकांक आनन्दोत्सवु। ग्रहणकाल अहो, तजाक विचित्र। शेणा उदाक दुवरा

With best compliments from :

Sree Balaji Curtains

duroflex Sulfex Kurl-on

N. Cherlai, Kochi - 2. www.keralaspicy.com

Mob : 9745201545, 9645001545 Office : 3068255

Curtain works, Upholstery works, Blains works, Bamboo Curtains & All kinds of furnishing works, Aluminium Fabrication, Sintex works, Mosquito Netlon works

कन्नडि कांयि आतं नाका। टी.वी.न्तुल्यान तत्क्षण दृश्य ! वज्रमुद्दि.... अद्भुतरंग चतुरंग। भक्ति मुक्ति संपात्तित्यादीचे दाता श्रीराम श्री कृष्ण अवतरेलेले रविशशी वंशावलीन्तुल्यानी। वेद शास्त्र साहित्य शाखोपशाखेन्तु सौर सूक्त स्तोत्र स्तवनांक स्थान खण्डिभरि। सूर्यास्त नात्तिले देश कुटुम्ब अथवा व्यक्तित्व म्हळ्यारि अनन्तसमृद्धि सोपान म्हुण गुप्तध्वनि। सर्वाचोय समत्व वितारकु सूर्या। सूर्याक सोणु सूर्या निमित्त उपजेंवचें स्रोतारि भून्जून हुम्मेवनु चक्रव्यूहान्तु फर्कून अतं पुणीय निज सौरोर्जारि मन व्होर्चें शुभ लक्षण। समर्गणी तें केल्यारि महाभाग्य।

वोत्ता प्रयोजनु कोण विस्रूक, अधिक जल्यारि हो हो हो। पावसु दोवु खंय थकून ! सूर्यालि कर्मकाण्ड प्रस्तुति विवरणातीत। अनिकय त्यावट्रान्तु ज्ञानार्जनाक वैज्ञानिक वांवट चलोयि! समान्याक साध्य इत्तें ? विशिष्टता, प्रबुद्धता, एकाग्रता, उत्तमता इत्यादिक प्रतीक कोर्नु सूर्य तेजान्तुल्यान जन्म साफल्य उद्धरगति ! तजान समस्तांक कल्याण ! ह्या खातिरि ऐक मेळूया मन्त्र लावूया प्रयत्न पावुंया, अटूट प्रार्थना करूया - धीयोयोन् प्रचोदयात् !!!

वेण्सुमम्मालो बळतूवो

- वी. सुरेश शेणै, कोच्ची

वेण्सुमम्माले धक्टि बयलेक
साटि वर्षारि दुव्वाळो
खांवका तिक्का वेण्टिमम्मालो
पोण्साघोरो तोळ्ळोलो
आन्द्रवायु अश्शिल्ले ते
वेण्सुमम्माक बळतूवो
दुड्डु मेळ्ळारि वेण्सुमम्माक
जांवका सूरा कोळसूळो
सूरु पिल्यारि वेण्सुमम्माक
लोकु सोग्ळो गुवंतोलो
रब्बूक जंत्रा बेस्सूक जंत्रा
पोट्टान्तु तक्का उण्डाळो
सूरु पीवनु रीण घेन्नु
पोण्सा घोरो हाडतोलो

वेण्टिमम्मान दिल्लो तक्का
पोण्सा घोरो कोरपल्लो
करण्डेलो तो पोण्सा घोर्यांतु
एकु दोनि सुत्ताळो
कोपु एन्नु बयलेन वोळ्ळो
कायलातो तो तप्पेयलो
वेण्सुमम्माले फट्टीरि तीणे
कायलातो तो दोवोर्लो
ताडकेचें रूप धोरनु
तीणे तक्का धंडायलो
घडोत्कचा बोब घालनु
वेण्सुमामु धंतोलो
सप्ततीचेरि वेण्सुमम्माक
सोणु गेल्लो बळतूवो. ☒

With best compliments from :

KBH

Phone : 2367189 PP
Mob : 94467 41145

KAMATH BOOK HOUSE

Convent Road, Ernakulam, Cochin - 682 035

याद

- सुनील पालकार, नावशी, गोंय

गेल्ल्यां दिसांची आतां याद कित्याक ?
निर्जीव प्रेताचेर ओगीच वाद कित्याक ?

ते येवन गेले सादर जावन गेले
ताळो सराटून आतां साद कित्याक ?

मेघानी थप्प भिजयलें जालें तृप्त
त्यां खिणांचो आतां सोद कित्याक ?

काळा वांगडा चलता ज्ञानी सज्ञानी
उलटे दिकेन चलपाचो मोद कित्याक ?

सोडून दिलींना आजून पळोवपाचीं सपनां
जीवितभर तांचो नाद कित्याक ?

जाता केन्ना केन्नाय अस्वस्त मन
अबोध मनांचे फुकट बोध कित्याक ?

मुरळीधारी

- कु. अञ्जली किणि, कोच्ची

वृन्दावनान्तु गोपी संग केली रासलीला
दर्शन दी मुरळीधारी संग राधिका
म्हण्ता ह्यी गोपिका।।
धन्य जाले ते रेवे कण
तुजे चरणा स्पर्शान
जन्म अनेका पुण्य।
अहो ! भाग्य केलीली ती वृज भुमी
श्री हरि व्हण्टी घेंव्वाक... खेळोव्वाक।।
अज्ञानाचे कोळसे ह्ये फुटोव्नु
मन ह्ये लोणी तू फारी
कोरना हांव कागळी।
तुजे वेणु नाद आयकूक त्रसीत
मेजे कान ह्ये श्री हरी... कृपा करी।।

केरळ-कर्नाटक कोंकणी

- गुरुदत्त एस. प्रभु, कोच्ची

तू तगेलो कोण जत्ता - तू तगेलो कोण लेकता
हत्तान्तुले निसर्ले - हत्तान्तुले चुकले
कोळोव्नत्तिलें - कळेय्नास्तना
मनांतु कर्ता - अर्थु कोर्नु घेत्ता
वेगळे जोली ना वें - विंगड काम ना वें
कन्ना किर्लो धरचे - कानु तिरपूचे/कानु पिळचे
नांक भरि काम अस्स - एक राशि काम अस्स
तस्सीणा - तस्सीचान/ तेद्राचान/ तश्शाण
अस्सीणा - एद्राचान/ अस्सीचान/ अश्शाण

चेर्डुवांलि चित्रँ

कु. ए. नन्दना (10)।
कोच्ची अजोय दयानन्द अनि
सिन्धु हांगेली सुपुत्रि।

With best compliments from :

imc The Complete Digital Store
International Marketing Co.

39/4755 A, IMC Tower, Madhavan Nair Road,
Ravipuram Jn., Ernakulam, Cochin - 16.
Tel : 0484-4135000,4135001, 3018068,
3018067, 3018070, 3018069, 2374820
Fax : 0484 2374820
E-mail : imc@asianetonline.net

AUTHORISED DISTRIBUTOR FOR DELL AND SONY
Dealers in Computers, Peripherals, Network Solutions

नाटक गान

ऐक्काय ऐक्काय मिग्गेलि काणि
हाथ पाय शेळ जंचि गति
खाल ऊंच बयलो कडताय
रगत सोडून चेर्डूवं पित्ताय (ऐक्काय..)

फल्ले फल्यारि कॅणि बयल्येक
कापि घेवनु रब्बीला दिक्का
कोयरु सित्तोडो काणु जल्यार
नंव्वाक कोप्पोरो तप्पोवनु घालका (ऐक्काय..)

रोगड्या उंचार घुवळि काणु
पीट वट्टून पोळे काडका
सीत, तोय, हप्पळ तोळनु
रंदयेक फण्णय घालका हांवे (ऐक्काय..)

गंवगांवान्तु शिवेली चोंव्वाक
चेर्डुबाळांक हल्लडि वोर्का
फुगो, पेंपरें, खिळखिळो घेवनु
कीस मिज्जे तट्टर कोर्का तंका (ऐक्काय..)

बयलो मक्का शिवेलि करतलीं
चेर्डूवँ फट्टीरि डुंको मरतलीं
निश्या थेंबे घालनत्तिले
उप्पासि घालनु बजीतलीं मक्का (ऐक्काय..)

नाटक -"कपला बोरो" 2000 शिवरात्रि दिस्सा
स्थल - उद्यानेश्वर (कोच्ची) देवळाकडे
अवतरण - भुवनेश्वरी कला केन्द्र, कोच्ची
संविधान - के. मंगळदास प्रभु. कोच्ची
नाटक रचयिता - एस. मुरळीधर शेणै
गानरचना - आर. कृष्णकुमार नायक, कोच्ची
संगीत संविधान - जी. मुरळीधर शेणै
गायक - मनोहर रंगारि - जयदीप,मंगळदास

भक्ति गानामृतं

- के. शान्ता बाई, कोच्ची

गोविन्द गोविन्द गोविन्द म्हणायि
श्रीवेंकटेशाक गोविन्द म्हणायि
श्रीवेंकटेशाले नाँव ते म्हणायि
मन्त्रान्तु शान्ति मग्गून घेय्यायि।।

मग्गीलो दिंवचो तो गोविन्द देवु
अम्का रक्षण कोर्चो श्रीवेंकटेशु
गोविन्द कीर्तन नित्य तें केल्यारि
अम्का दर्शन दिंवचो श्रीवेंकटेशु।।

उक्कूळीच्या रंग

- एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

उक्कूळीच्या रंग सगकडेन उमंग
रंगाच्या प्रसंग मस्ती खेळ संग
आमोदाच्या श्रंग बहुविध तरंग
दिसता सासु रंग जाल्या होड जंग
(उक्कूळीच्या रंग...)

बोदु तो अनंग लासलो हंय चंग
लायले भस्म अंग शिव पीवून भंग
भक्तजनां संग नाचलो तो अभंग
केश वे भुजंग राबले सग दंग
(उक्कूळीच्या रंग...)

रूप ताजे लिंग स्थूल सूक्ष्म तुंग
अंग आनी प्रत्यंग चित्रवर्ण पतंग
उबले हृदया संग जाल्या म्हू सारंग
केरि केरि तंग उक्कूळीच्या रंग
(उक्कूळीच्या रंग...)

With best compliments from :
Proprietor :
Sivaram B. Prabhu
Phone : 0484 - 2381342
Mob : 98470 56521
PRABHU'S Banana
Wholesale Banana Merchant
Basin Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

रस्पति - आर. के. प्रकाश, पळ्ळूर

Dr. P. N. N. सिंह
डॉ. प्रश्नु ना नरसिंह
SSLC, PDC, BSc., MBBS (3 times)

सुकुमारी : गीन्त म्हणूक लायक न्हय मजो ताळो। मगीरि मका इत्याक यो बरबरी ताळो डॉक्टर ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना, बोब घालका जाल्यारीय, गोन्दोळु घालका जाल्यारीय यो ताळो न्हयवें हस्ते ताळो।

* * * *

भीमसेन : डॉक्टर, आमगेले नाटकान्तु रायालो ना यमधर्मालो वेषु डॉक्टराक घालूक जातोलवे ?

डॉक्टर - प्रश्नु ना, हांव हांगा दोन्नीय वेषु घालनु बेसला तं। अभिनय न्हय, वास्तव।

आश्रित एस. भक्ता (8 वर्ष) पी. एम. सुनिलकुमार अनि डीना हांगेलो सुपुत्रु। कोच्ची देवी विद्यापीठम हंगा सिकता। क्रियेटीव इवेन्टस, कळमशेरि (केरळ) हांन्नि आयोजित केल्लेले "Spell & Write" मत्सरान्तु संस्थान तलार 'A' ग्रेड प्राप्त केल्ले। (जिल्ला तलार 2nd रांकय अस्सिले।)

आळें (കടങ്കഥ / Riddles)

- के. पुरुषोत्तम पै, कोच्ची

मूगा येदें मत्तें सस्मावरी दोळे
चोणे येदे पोट अस दोनि पाक।
सर्वां घरां येत्ता खाणान्तु बेसूनु खत्ताय
मर्ताय सर्वै तांकां दिस दीस मस्त जत्ता।
एस्सलेदेय गोंगे कोणा हत्तान्तु पणां।
कोण ते म्हुण संगाय चिन्तन कोर्नु तुम्मी।

मूस



परणी म्हण्णी

- श्रीदेवी सुरेश प्रभु, कोच्ची

- गोड ना जल्यारि
  गोड् (डचि) उत्तर ना वे ?
- न्यायु सोणु अन्याय चल्तल्याक
  देवु हातु दीना।
- पुज्जा कोर्नु बेज़ार अय्लो भट्टु,
  बायँतु उडलो। थँयि तक्का
  साळिग्राम मेळ्ळो।।
- देवु अस्स जल्यारि कोणाक
  भीवँका ?
- म्हलगड्यालें उत्तर प्रमाण कोर्का।

With best compliments from :

Phone : 2384678, 3042529
Res : 2371326
Mob : 98953 00868

VASUDEV AGENCIES

40/8740, T. D. East Sannidhi Road, Ernakulam, Kochi - 682 035

GI Fittings, CP Bathroom Fittings, GM Valves & Cocks, PVC Pipes, PVC Valves, Pipe Fittings

सुभाषित

माया जी.कम्मत
कोच्ची

**"यथा भूमिस्तथा तोयं यथा बीजं तथाङ्कुरः।
यथा देशस्तथा भाषा यथा राजा तथा प्रजा।।"**

भूमिचे गुणानुसार अस्तलें थंगा थकून मेळचे उद्दाक, बीजाचे गुणानुसार अस्तले तक्का जाव्वें अङ्कुर, एक देशानुसार अस्तले थंगाचि भाषा, तशीचि एक रायाले योग्यतानुसार अस्तलीं थंगाचे जनपद।।

बाळगीत - नागेष अण्वेकर, कारवार

कोंकणी नव्य तोकणायि

गोमटो गोमटो गोरो तांबडो बाळ आमगेलो।
गार्ष दोळे शेंबे नाक दिस्त सुन्दर।
वर्स दोन पूर्ण जाले पिवचे सोडना।
आनी आनी मणून रडता तोंड काडना।
घराभित्तर सानु बाळु मोगा गोंडो।
किरा वरी उलैता पळय मन्न फुलैता।
घरावरी पुंड कामु करता शूर।
पडता धांवता रडतेर बस्ता किरिकिरि सवणो।
अन्नु अम्मालि मोगा गोंडो पोर षाणो।
जन्म कायलो बाळ मागिलो पूर्वपुण्यान
सन्मनानां सांग्ता अत पोर देशेवान।
काणी गाणी मणून अयकुन नांचत उरतलो।
मोबैल मोग खूब अत्त हट्टि पोरुरे
खेळणि मणून मनान पुलता बाळ आमगेलो।
पोरान आमगेले आनंदाचे झाड नाटैले।
मोरावरी नांचुन खेळून मन पुलैता।
बाळ बरो गुणान बरो सारून सांग्ता हां।
बत्कि बाव सूत्कि अत्त अगदि गरच्याचि।

दशावतारवर्णन

(भामिनि काव्य) - नागेष अण्वेकर, कारवार

परुषराम

परुषरामति तपोनस्तन
परडि रापुतो कार्तवियंत
पुरुळ जाव्नशि खंडत निर्दयनि।
करणी पळितन परुष रामक
परुतु नोळ्कलो पितालत्येचे
गरुव ळरणक सुटलो क्षत्रिय वंश नाशाक

गोय आनी केरळ कोंकणींतलें अंतर

- एन. बालकृष्ण मल्या, कोच्ची

केन्ना केन्नाय - एक एक वेळे
उबे - नीट
फूंक मारप - फूंकुचे
सुवातेर - स्थलार, जाग्यार
पुण - जल्यार
राग - कोपु
अक्ल - बुद्धि
घोंटेर - घूडु
उडूंक - उब्बूक

With best compliments from :

Ramanand Kamath
Phone : 0484 2362426

ॐ

Mahalakshmi Metals

XL/3471, Sree Vasudeva Buildings, Jews Street, Ernakulam - 682 031

Dealers in Aluminium Vessels

ओलन

बायलाँ खातिर (ददल्यांकय) - पत्मजा कामत, दिल्ली

सामग्री

1. तंबीडि सोप्पूरि चवळि- 200 ग्रां
2. कुवांळे - 250 ग्रां
3. नार्लु - 1
4. जीवि मिरसांग - 4 - 5
5. नरलेल - 3 चिपट
6. मीट - आवश्याक
7. हींगु -जायजल्यारि

प्रथम नार्लु वट्टून दूद काणु दोवोर्का (वलवला कडचे प्रमाणि)। कुवळ्या सालि पर घालनु सान कुटके कोर्का।

चवळी, कुवळ्या कुटके अनि मिरसांग चीर्नु आवश्य उदकान्तु घालनु सिज्जोवंका। चवळी सिज्जून चांग जाव्नु मेळसुका। नन्तर नर्ला दूद हन्तु मेळावनु धा मिनिटांक खोतखोतो काडका। उपरान्ते रुचीक अनुसृत मीट मेळोवंका अनि पांच मिनिटांक खतखतावंका। उज्जारि थकून खल्ला काणु नर्लेल घालनु पांच मिनिटांक दंप्पून सोडका। नन्तर उपयोगाक काडयेत। स्वादिष्ट एक उप-रंवदेयि।

दोनि बोकड अनि एकु कोल्लो

- ए. आर. प्रभु, कोच्ची

एक रत्रान्तु एकु कोल्लो रबून अस्सिलो। लगि गावान्तु एक मनुष्यु, बोकोडी अनि गाय्क वडेयतालो। बोकोडी कुटान्तु दोनि थोरच बोकड असिल्ले। तीं केदनायि एकसनीच तण खावनु भोंवन्ताले। ते बोकडांक मारनु खांवका म्हुण ते कोल्यान मन्त्रान्तु निश्चयु केल्लो। तक्का इत्ति वाट म्हुण मन्त्रान्तु आलोचन केल्लि। तंका झगडान घालूक निश्चयु केल्लो। एक दीसु एक बोकडाक लगि ताणे नुतो सांगिले। तुगेले भांवड (बोकोडु) तुका काँय बल ना म्हुण सांगता। तस्सीच एकु दीसु अनि एक बोकडा लगीयि संगीले। तंक्का अलतापेलतान्तु झगड्या वाट जल्लि। तन्नि दोगयि बोकडानि कोल्याक मध्यस्त कोर्नु एक गुस्ति घडयलि। गुस्ति घेवनु बोकडा मत्ते भेत्तूनु रगत एमचा आरांभिले। कोल्याक ते रगत पिंचाक ओंसोरु जल्लो। मस्तकान अलतपेलतान्तु मार्नु धूर गेल्ले। दुसेरीय मस्तकान मारूक एमचे वेळेरि कोल्लो रगत पिंचाक मोहें गेल्लो। बोकडानि एवनु मत्ते अलतपेलतान्तु मार्लेले कोल्या पोट्टाचेरि जल्ले। तस्सि कोल्लो मरण पवलो।

With best compliments from : Ramanand Kamath

Sri RajaRam Traders

Dolls & Toy Shoppe

XL/3488, Sri Vasudeva Bldg., Jews Street, Ernakulam, Cochin - 682 031
Phone : 0484 2353520 E-mail : mailramz@yahoo.com

With best compliments from :

PRABHU'S SANITARY

PALLURUTHY NADA, COCHIN - 682 006

ANAND EQUIPMENTS

NEAR E. S. I. PALLURUTHY, COCHIN 682 006

FOR ALL SANITARY GOODS

Phone : 0484 2235986
Mob : 98479 32983

With best compliments from :

For Wedding Sarees and Readymade Garments

DAMODARA PAI SONS

Nadakkavu Road,
Cherthala - 688 524
Phone : 0478 - 2812245

औषद पंक्ति- 26

अज्जेलीं बोक्कडा

(मुत्तश्शि वैद्यं)

सुशीला टी. भट्, कोच्ची

एरण्डीची अंकूरी (आवणक्क)

एरण्डीचे रुक्काचे अंकुरेचे सात-आठ पल्ले काडून चांग कोरनु धूवनु एकी चिंटी जीरेंय एक्कडे कोरनु चांग लनच जावनु वाटतलीं. तें अर्ध खोल्लो बोक्कडीचे दुद्दान्तु घालनु नकाणीच रित्तें पोट्टार रोग्याक दीवप. हेंवय दिस्साक एक फन्ता मात्र. हें औषध मूत फूट जावनु यतार्थ रंगु एवु भितर रोग्याक दित्तलीं. वूणे धा-बारा दीस पुणीय दींवका जात्तलें.

मोवरया पल्लयांचो कषायु (पूपरुत्ति)

मोवरया रुक्काचे पिक्कल्ले पल्ले एक मूटु काडून धूवनु सपूर कोरनु सिन्धूनु आठ खोल्ले उद्दाक घालनु खोत-खोतो काडून स्वल्प अट्टोवनु तो कषायु सक्काणि, देनपारां, संजे वेळांचे अर्धु खोल्लो लेक्कान रोग्याक दीवप. हेंवय मूत फूट जावु भित्तरि दित्तलीं. मोवरयाचें फूल मेळचो कालु जाल्यार, पिक्कल्ले पल्ल्यां भरसी चार पांच फुल्लांय कषायाक घाल्यात. हो कषायु पिवंचे ओट्टु एक सनूच गोड्डा कुटुको लगेन दीवयात.

बाल गीत

सुणे आनी माजर

- भक्ता आर. काञ्गाड

माजर रडता म्यांवू.. म्यांवू.. म्यांवू..
सुणे भोंकता भौ.. भौ.. भौ...
माजराले बाल नीट नीट
सूण्याले बाल वांकडें
माजर भोवंता घरांतु
सूणे भोवंता अंगणांतु
माजर धरता विंद्राक
सूणे राखता घराक
दोन्नीय आमका मोगाचीं
दोन्नीय अमका घराचीं.

श्री गजवदना

- के. अनन्त भट्ट, कोच्ची

गजवदना सुखसदना हे गणेश देवा।
भजताति करताति नित्य तुजी सेवा।।प.।।
अभयदान दी मनान मागून घेत्ता हांव।
शम्भुतनय तूंचि अभय म्हणता तुजें नांव।।
गजानना तूं आसतना भयना काहीं माका।
विजयु विभवु तूंचि प्रणवु विंगड संपत्ति नाका।।१।।

लंबोदर अंकुशधर गणराया राक।
अंबासुत अमरविनुत देवु तूं सर्वांक।।
सिद्धि बुद्धि सुख समृद्धि तूं सर्वांचो दाता।
बुद्धि दी म्हणता अनन्तु तूं भक्तांचो त्राता।।२।।

With best compliments from :

Phone : 2877682

രുചിയേറും ഭക്ഷണത്തിന്

KAMMATH HOTEL

(VEGETARIAN ONLY)

ERAMALLOOR P. O.

आमी आभारि ⇨

श्रीमद् भगवद्गीता भाषा

कोंकणी अनुवादकु :
इन्द्रकांत वासुदेव शेणै

कोंकणी साहित्य यज्ञ माळा -1 (1981) हंतूली प्रस्तावना

ईन्द्रकान्त शेणैले कोंकणी कामान्तु एक प्रधान काम आसा श्रीकृष्णाले जनन थाकून आसीली कालगणना। ह्यें आमी ऊण-ऊणे जाव्नु हांगा अनुवाचकांक परिचयु कोर्नु दित्ताय।

(जनुवरि 2014 अंक थकूनु ....)

ऐतिहासिक काल गणना :- आतां आमगेले ऐतिहासिक काल गणनेचे हेत्वर्थ ही वयरि दिल्लेली तीन मुख्य, ऐतिहासिक घटणा घेतल्यारि ताजे उपरांते आस्सिल्ले प्रतिं एक धटणेचो काल गणना सुलभ जाता.

उदाहरणाक :-

इंग्रेजि पद्धतिन वर्ष	घटनेचो विवरु
B. C. ३२०२	श्रीकृष्णाले जनन
B. C. ३१३८	महाभारत युद्ध, युधिष्ठिर पट्टाभिषेकु
B. C. ३१०२	श्रीकृष्णालो स्वर्गारोहण कलियुगारंभु आनी युधिष्ठिरालो राज्य त्यागु आनी परिक्षितालो पट्टाभिषेकु

आर्य रायां आनी तांचे शासनकाल आतां वयर दिलेले मुख्य ऐतिहासिक घटणा लक्षांत धरनु इन्द्रप्रस्तांतु शासन करनु आयलेले आर्य रायांचे काल सोदून काडूक कांयिच कठिन ना. महाराजा युधिष्ठिर थकून भारतांतु गज्जनीचो शाहबुडीन घोरी येवुपर्यंत आस्सिल्ले आर्य रायांगेले पट्टिका सकल दित्तां. हांतु प्रत्येक आर्य रायांले नांव तांचे शासन कालु दिलोलो आस्स :-

आर्य रायाले नांव	शासन कालु		
	वर्षं	मासां	दीस
१. श्रीमन महाराजा युधिष्ठर	३५	८	२५
२. " परिक्षित	६०	०	०
३. " जनमेजय	८४	७	२३
४. " अश्वमेध	८२	८	२२
५. " राम (द्वितीय)	८८	२	८
६. " छत्रमल्ल	८१	११	२३
७. " चित्ररथ	७५	३	१८
८. " दुण्टशैल	७५	१०	१८
९. " उग्रसेन	७८	७	२१
१०. " सूरसेन	७८	७	२१

With best compliments from :
COCHIN VINYLS
8/1813, Town Hall Road, Koovappadom, Cochin - 2.
Phone : 9847275478
Mfrs. of : POLYTHENE BAGS, SHEETS, COLOUR TUBINGS, L. D. GROCERY COVERS, BLACK GARBAGE BAGS (1ST QUALITY), H. M. GROCERY COVERS, H.M. SILKY SHEETS & L. D. RUBBER RAINGUARDING SHEETS

With best compliments from :

J. LAKSHMAN RAO
C/o. Rao Electronics
T. D. West Road, Ernakulam - 682 035

Phone : 2369976
Mob : 9446469976
Email : jmanurao@gmail.com

YOUTUBE - Search for Videos of KONMAN68

पी. एस. रामचन्द्र शेणै (1917-2005)

- शरतचन्द्र शेणै, पोळ्ळूर

आपणाल्या प्रसादात्मक आनी चिंतोद्दीपक अश्या कवितांनी केरळ राज्या भायर आशिल्या अनुवाचकांक पर्यंत परिचित जालोलो कवि आमचो शेणै माम. तीन दशकांच्या अध्यापनवृत्तीचे उपरांत मुख्य अध्यापक जावनु निवृत जालोलो. सेवानिवृत्तीचे नंतर सुमार वर्सां गेलीं म्हण्टना एक दिसा (10-9-1994 म्हुण तांचो थेट उडगास आसा) सांजेचे चमकणेच्या वेळार अवचित एक कल्पना, कांय पंक्ती आनी एक शीर्षक (कालु) तांगेल्या अंतरांत उदेलीं. घरांत पावनु ती कविता कागताचेर ओतीतना दिसलें तें मनोसुख तेंच आपणालें प्रचोदन अशी तान्नी सांगल्यां. स्वताच सानां थाकून ते एक काव्यरसिक-म्हळ्यार मलयाळम् कवितेचे. वृत्तबद्ध आनी आशयसमृद्ध कवितेचे ते आराधक तशीच वक्ते. आनी तान्नी आपणाल्या जीविताचें निमाणें दशक कोंकणी कवितेक समर्पिलें. सुमार नेमाळीं तांच्या कविता घेवनु आयलीं - कोंकण जनता (कोच्ची) सारस्वत वाणी (कालिकत) वैष्णवरत्न (कारणकोडम्) आनी सुनापरान्त (गोंय). काव्योद्यान (1999) आनी कोंकणी काव्यमंजरी (2004) ह्या कविता संकलनांनी तांच्यो कविता वाचूक मेळताय. तांचो स्वंत काव्यसंग्रह "पुष्पांजली" 2001 वर्षा "शेणै प्रकाशन-पळ्ळुरुत्ती" हे संस्थेन उजवाडा हाडलो. कोंकण जनता, कोंकणी भाषा प्रचार सभा, वैष्णवरत्न आदी संस्थें वाटेन हांका सुमार साहित्य पुरस्कार मेळ्ळे. हांची सहधर्मिणी श्रीमती. वत्सला शेणै (1926-2010) स्वतः एक कोंकणी लेखिका आशिल्ली. शेणै मामाले पुण्य स्मृतीन कालिकत थाकून आतां प्रति वर्षा एक कविता मत्सर चलोवनु "पुष्पांजली" पुरस्कार दीवनु येत्ताय.

With best compliments from :

Phone : 0488 2432666

Mallaya Jewellers

Ipe Building,
OTTUPARA (THRICHUR DIST.)

100, 5, 105

। गोश्री पुरं हरिकुमार ।

भीमान कोप्पान ....



तंक्का तस्सीचि जायि। अम्मि कोर्का जल्लेले गंधर्वानि केल्लें ! तितलेंचि।

पांडव तंगेले वनवासकालाचे बारावें (12) वर्ष द्वैतवनान्तु रब्बूक लगलिं। यागु-यज्ञादिक कोर्नु ऋषिवर्यां लेकान अस्सिले जीवित अपणायलें। तन्नी कष्ट भोगूचे चोव्नु सन्तोषु पंवचाक दुर्योधनादि थंगा गेल्लीं। जल्यारि थंगा गन्धर्वालगी युद्ध कोर्का जल्लें। गंधर्वानि दुर्योधनादि कौरवांक बन्धनस्थ केल्ले। कौरव सैन्यान्तुले दोनि-तीनि जण धाव्नु युधिष्ठिरा लगि एव्नु कथानक संगीले।

युधिष्ठिरु सांगता जल्लो ....



"परैः परिभवे प्राप्ते वयं पंचोतरं शतम्,
परस्पर विरोधे तु वयं पंच शतं तु ते।"

कुटुम्बान्तु भित्तेरि तरि मतभेद अस्स जल्यार अम्मि 5 तन्नि 100। जल्यारि अंगेले कुटुम्बाक पर्के तरि द्रोहु दित्तायि जल्यारि अम्मि 105। दिक्कून, हे भीमा ! हे अर्जुना ! तुम्ही वोच्चून गन्धर्वालगी समाधानान जत्ता जल्यारि तस्सि ना जल्यारि युद्ध कार्नु दुर्योधनानि भौण्डांक मुक्त करायि।

ह्यें कोंकण्यानि अतँ उडगासु कोर्नु चिन्तन कोर्नु प्रवर्तन केल्यार उचित अस्तलें ।

With best compliments from :

Estd. 1953

THE MATTANCHERRY SARVAJANIK CO-OPERATIVE BANK LIMITED No. 3284

Head Office : P. B. No. 142, Cherlai, Kochi - 682 002.
Phone : 0484 - 2223373, 2223122, 2221215
Fax : 0484 2223617
E-mail : msarvajanik@rediffmail.com

RBI Licence No. ACD.KR-178P Dt. 28-01-1980
(SPECIAL GRADE URBAN BANK)

MAIN BRANCH	PALLURUTHY BRANCH	MOOLAMKUZHY BRANCH
CC 4/1166, CHERLAI, KOCHI - 682 002	CC 18/635, ESI ROAD PALLURUTHY, KOCHI - 682 006	CC 15/2033 (New 26/400) MOOLAMKUZHY JN., KOCHI - 682 002
Ph: 2221315, 2224096	Ph : 2232396, 2234817	Ph : 2221314, 2221214

FINANCIAL POSITION AS ON 31-03-2013

Authorised Capital	: Rs.	500.00 Lakhs
Paid up Capital	: Rs.	259.18 Lakhs
Reserves and Surplus	: Rs.	207.09 Lakhs
Deposits	: Rs.	8198.88 Lakhs
Loans and Advances	: Rs.	5646.02 Lakhs
Working Capital	: Rs.	8573.34 Lakhs

R. NAVEEN KUMAR
(Chairman)

V. MURALI
(General Manager)

Reg. No. KERKON/2012/45527 **SPANDAN** Registered - No. EKM/732/2012-14
Vol. No. 3 Issue No. 4 Rs. 5/- Published by : KERALA KONKANI ACADEMY, KOCHI 10th April 2014

AMBIS RESTAURANT

CC. 8/1216 A, T. D. North Gate, Kochi - 2

Sister Concern :

AMBI'S DISTRIBUTORS

CC. 8/1216, T. D. North Gate, Kochi - 2.

Prop : R. KRISHNAKUMAR NAIK
Ph : 9388505339

Distributors of All types of ELITE CAKES

AMBI'S FOOD PRODUCTS

Pappad, Fryums, Sauwari Kondattam etc.

With best compliments from :

MEI

For all your requirement in Electro-Medical Equipment in the field of Psychiatry, Physical Medicine Alternate Medicine and Cardiology

Contact :

Mohan's Electronics & Illuminators

941/44, Parinamam Road, Kaloor,Kochi - 17
Phone : 0484 2530788 9847335788
E-mail : dasmohan60@gmail.com

Please visit our Website for full range of Products :
www.mohansmedico.com

Printed and published by Suresh A. Shenoi on behalf of Kerala Konkani Academy and Printed at M/s. Prakash Process, Srinivasa Mallan Road, Ernakulam, Kochi - 682 035, Ph : 2350960 and Published at 8/28, Santheri,1st Floor,Opp. M.S.C. Bank Ltd., Cherlai Road, Kochi - 682002. Editor - Suresh A. Shenoi